
# दियेगो



जेनेट विंटर आनी जोनाह विंटर
कोंकणी अणकार : किरण पालकार

# दियेगो



जेनेट विंटर आनी जोनाह विंटर
कोंकणी अणकार : किरण पालकार


TO ROGER



मॅक्सिकोच्या ऊंच दोंगरांनी गुआनआजूऑटो नांवाचें एक ल्हानशें शार आशिल्लें.



आनी गुआनआजूऑटोंत एक सुखी जोडपें रावतालें. तीं सुखी आशिल्लीं कारण तांकां दियेगो आनी कार्लोस, हीं जुळीं भुरगीं आशिल्लीं.



पूण कार्लोस खूब दुयेंत जालो आनी भायर पडलो. त्या वेळार तो दोन वर्सांचो लेगीत नासलो.



उपरांत बाबडो दियेगो एकलो पडलो. तोवूय आपलो भाव कार्लोसा वरी दुयेंत पडलो. दोतोरांनी तांकां दियेगोची जतनाय घेवपाक एक नर्स दवरपाचो सल्लो दिलो. तांकां आन्तोनिया ह्या नांवाची एक बायल मेळ्ळी. ती एक भारतीय नर्स आशिल्ली.



आन्तोनिया, दियेगोक घेवन दोंगरांनी आपले झोंपडेंत घेवन गेली. थंय निवळ आनी ताजी हवा आसली. थंय सुर्याचो उजवाडूय खूब पडटालो.



तिची झोंपडी खूब ल्हान आसली पूण दियेगो खातीर ती योग्य सुवात आसली.



झोंपडेंत जादूच्यो वस्ती आशिल्ल्यो. थंय एक आल्तार आशिल्लो जाचेर मेणवाती आनी ल्हान ल्हान बावल्यो आशिल्ल्यो. थंय वेगवेगळीं वखदी पाळां-मुळां आनी सुकिल्लीं फळां आशिल्लीं. ताचेर उपचार म्हूण आन्तोनिया तांचो वापर करताली.



दियेगो न्हिदेंत लेगीत आन्तोनियाच्या ह्या वखदी पाळां-मुळांचो वास घेतालो.



दिसाचो दियेगो जंगलांत खेळटालो. जंगलांतलीं जनावरां ताचीं इश्ट जाल्लीं.



एक दीस दियेगोन शिळोणी घाली. ताका जाप दिवपाक एका किरान शिळोणी घाली. तो कीर दियेगोचो पाळीव कीर जालो.



ल्हव ल्हव दियेगो स्वस्थ आनी घटमूट जालो. उपरांत ताचो घरा वचपाचो वेळ आयलो.



पूत घरा आयला हे खोशयेन ताच्या आवय-बापायन ताका कांय रंगीत चॉक भेट दिले. दियेगो दीसभर सगळीं कडेन चित्रां काडूंक लागलो. ताणें वणटीचेर लेगीत चित्रां काडलीं.



दियेगोक चित्रकला इतली आवडटाली, ताच्या बापायन ताका घरांतच एक स्टुडियो तयार केलो. वणटींचेर सगळीं कडेन ब्लॅकबोर्ड आशिल्ले. दियेगो दीसभर फकत चित्रां काडटालो. हळू-हळू ताच्या चित्रांनी रूमांतल्यो वणटी भरल्यो.



शाळेंत दियेगोक खूब त्रास जातालो. तो दीसभर आपल्याच सपनांनी बुडून आसतालो.



घरा येतकच तो सैनिकांच्या खेळण्या बरोबर खेळटालो. हीं खेळणीं ताणेंच तयार तयार केल्लीं. 5000 परस वयर खेळणीं ताणें तयार केल्लीं.



ताका रंगीत गजाली खूब आवडटाल्यो. इगर्जेचे वणटीचेर आशिल्लीं ल्हान ल्हान चित्रां पळोवंक तो थंय वतालो.



निमणे आवय-बापायन ताका कलाकार जावपा खातीर कला शिकपाचे एके शाळेंत धाडलो. हेर विद्यार्थ्यां परस तो पिरायेंत खूब ल्हान आशिल्लो. ताचे खातीर ही अभिमानाची गजाल आशिल्ली.



पूण आर्ट स्कूल दियेगो खातीर खूब उबगवणें आशिल्लें. ताका स्कुलांत मॉडल्सांचीं चित्रां काडपाचीं नासलीं. तो वास्तवीक जिणेंतलीं चित्रां काडूंक सोदी. ताणें तशेंच केलें. तो जें कितें पळयतालो, ताचीं चित्रां काडटालो.



ताणें “मरण दीस” ह्या दिसाच्या सुवाळयांचें चित्र काडलें. ह्या दिसा मॅक्सिकोंतले लोक, संवसार सोडून गेल्ल्या आपल्या लागींच्या मनशांची याद काडटात.



ताणें उत्सव आनी परबांनी लोकांचीं चित्रां काडलीं. ह्या खाशेल्या दिसांनी, लोक रंगबिरंगी मुखावटे घालून रस्त्यार नाचतात.




एक दीस दियेगोक एक भयानक घडणूक पळयली. पुलीस, आंदोलन करपी कामगारांक गुळयो घालतनाची ही घडणूक. ताणें तांचेंय चित्र काडलें. कित्याक? ताणें जें पळयल्लें ताचें तें चित्रण आशिल्लें.



दियेगो जें पळयतालो तें सगळेंच ताका आवडटालें अशें ना. ते खातीर, समानताये खातीर लढपी गरिबांक ताणें आदार दिलो. दिसवड्यांत वाड आनी बरी जीण जगपाक मेळची म्हूण ते झुजताले. दियेगोक आपल्या लोकांचेर मोग आसलो, पूण



सगळ्यांत चड ताका चित्रकला आवडटाली. ताका लागून तो पॅरीस गेलो, संवसारांतलें चित्रकलेचें केंद्र. पूण पॅरिसांत वचून तो मॅक्सिको विशीं चिंत्तालो.



उपरांत दियेगो इटली गेलो. थंय इगर्जेंत ताणें वणटी वयलीं सोबीत चित्रां (murals) पळयलीं. तीं पळोवन ताका एक कल्पना सुचली.




मॅक्सिको परत वचून पेण्टिंगाचे ते कल्पेक वास्तवीक रूप केन्ना काय दिता अशें ताका जाले.



तेन्ना सावन ताणें वणटी चित्रां काडपाक सुरवात केली. ह्या वणटी चित्रांक लागून तो फामाद जालो. ताच्या वणटी चित्रांनी मॅक्सिकोच्या सामान्य लोकांची काणी सांगली.





दियेगो दीस-रात चित्रां काडटालो. ताका मेळपा खातीर ताच्या इश्टांक निसणीर चडून ताका मेळचें पडटाले.



एक दीस निसणीचेर चडून वणटीचेर चित्रां रंगयतना तो झेमलो आनी निसणीवेल्यान सकयल पडलो.

पूण ताका चड मार लागूंक ना. आनी ताचे ताका पडूंकय नाशिल्ले. ताका फक्त आपल्या वणटी चित्रांचेंच पडिल्लें. त्या चित्रांतल्यान, ताणें जें कितें पळयल्लें तें सगळें दाखयल्लें - आन्तोनियाची झोंपडी, मरण दीस सुवाळो, उत्सव, वाळवंटीचीं चित्रां, जंगलाचीं चित्रां ह्या सगळयांचो तातूंत आसपाव आसलो. ताचीं वणटी चित्रां व्हड आसलीं. असलीं वणटी चित्रां संवसारांत आनीक खंयूच नाशिल्लीं.







दियेगो रिवेरा एक फामाद चित्रकार जालो. ताच्या चित्रांक पळोवन आपूण मॅक्सिकन नागरीक हाचो लोकांक अभिमान दिसूंक लागलो. हीं चित्रां लोकांक अजुनूय प्रेरणा दिता.

# दियेगो रिवेरा विशीं टिपण

दियेगो रिवेरा हांचो जल्म 8 डिसेंबर 1886 ह्या दिसा गुआनआजूऑटो, मॅक्सिकोंत जालो. संवसारभरचे लोक तांकां ताच्या कामा खातीर वळखतात. कित्याक? कारण ताणें कलेची परिभाशा बदल्ली. खुबशे चित्रकार चित्रां काडटात जांकां ते ऊंच चित्र-दालनांत लायतात, पूण दियेगो रिवेरान आपलीं चित्रां सामान्य लोकांनी पळोवचीं म्हूण उकत्या सुवातींचेर काडलीं. मॅक्सिकोच्या सामान्य लोकांक तशेंच संवसारभरच्या श्रमिकांक रिश्पेत दिवंक तशेंच मॅक्सिकोची चित्रकला निर्माण करूंक, दियेगो रिवेरा खातीर रस्त्या वयल्यो वणटी एक योग्य सुवात आसली. ताका लागून, मॅक्सिकोंतल्या सगळ्या वणटींचेर चित्रां काडूंक ताका सांगताले - शाळेंत, राजम्हालांत आनी सरकारी कार्यालयांनी. दिगेयो हांकां मॅक्सिको भायरूय नामना मेळिल्ली. सेन फ्रांसिस्को, डेट्रॉयट आनी न्युयॉर्क सिटींत लेगीत तांकां वणटी चित्रां काडूंक आपयल्ले. ताच्या ह्या कामान उत्तर अमेरिकेच्या कलाकारांक वणटीचेर चित्रां काडूंक प्रेरणा दिली. दिगेयो रिवेरा हांणी आपले जिणेंत अडेज मैलां परस चड लांबायेचीं वणटी चित्रां काडल्यांत असो अदमास आसा. दियेगो रिवेरा हे आपल्या स्टुडियोंत काम करतना 24 नोव्हेंबर 1957 ह्या दिसा संवसाराक अंतरले.

दियेगो रिवेरा ह्या भुरग्याक चित्रां काडूंक खूब आवडटालीं. तो सगळयांच गजालींचेर चित्रां काडटालो. वणटीचेर लेगीत. ही काणी आसा ह्या चित्रकाराची. मॅक्सिको आनी संवसारांत नामनेक पाविल्ल्या वणटी चित्रकार दियेगो रिवेरा.



ह्या पुस्तकाक, *द न्यू यॉर्क टायम्स* हाचो
उत्कृश्ट बालसाहित्य चित्रां पुरस्कार आनी
1991 वर्सा *'पेरेण्ट्स चॉयस'* पुरस्कार फावो जालो.